Akashvani Panaji National BULLETIN 28 April 2025 8.40 am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत YUGM परिशदेंत वांटो घेतले. संस्कृत भाशेंत YUGM शबदाचो अर्थ संगम. सरकारी, शिक्षणीक मळार, उद्देगधंदे आनी नवनिर्माण करपी फुडाऱ्यांक एकठाय हाडपी पयली रणनिती परिशद. वाधवानी फावंडेशन आनी सरकारी संस्थांच्या संयुक्त गुंतवणुकींनी सुमार एक हजार 400 कोटी रुपयांच्या सहकार्याच्या प्रकल्पान चालना दिल्ल्या देशाच्या नवनिर्माण प्रवासांत योगदान दितलें.

---

---

चार धाम यात्रे खातीर उत्तराखंडचे मुखेलमंत्र पुश्कर सिंग धामी हांणी जिल्लो न्यायदंडाधिकाऱ्यां वांगडा बसका घेवन नियाळ घेतलो. ही यात्रा फाल्यां सावन सुरू जाता. पुश्कर सिंग धामीन हांणी सोशल मिडियाचेर घातिल्ल्या पोस्टांत म्हणलां की २ मे दिसा सावन भाविकांक केदारनाथ धामाचेर बाबा केदार हांचें दर्शन घेवंक मेळटले. चार धाम यात्रे खातीर काल सावन नोंदणी सुरू जाल्या. ज्येश्ट नागरिक, विदेश पर्यटक आनी हेरांक सोंपे तरेन नोंदणी करपाक मेळची हे खातीर प्रशासनान उपाय घेतल्यात. हे यात्रेक भाविकांची गर्दी जाता ते फांटभुंयेर मुखलेमंत्री पुश्कर सिंग धामी हांणी सुरक्षा वाडोवपाचो आदेश दिला.

---

केद्रीय शेती, शेतकार कल्याण आनी ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी काल देशांतल्या सुमार ७३१ कृषी विग्यान केंद्रां वांगडां व्हर्चुअल बसका घेतली. शेती मळाचे उदरगती खाती काम करपाचेर तांणी भर दिलो. ह्या मळार खूब वाव आसा अशेंय तांणी म्हणलें. ४५ टक्के लोकसंख्या शेती मळा वांगडा जुडिल्ली आसा आनी देशाचो १८ टक्के जीडीपी शेती मळांतल्यान येता अशें मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी मुखार म्हणलें. शेती मळाचेर उदरगत सादपा खातीर आनीक परिणामकारक रितीन

काम करपाची गरज तांणी उक्तायली.शेतकारांची तांक वाडोवपा खातीर प्रशिक्षणाचेरय भर दिवपाचेर तांणी सांगलें. ह्या माध्यमांतल्या शेतकार स्वयंपूर्ण आनी सशक्त जातलो अशें मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें.शेताक लागपी सारें आनी हेर गजालींचेर सगळ्यांनी लक्ष दिवचें आनी बरें पीक काडचें अशें तांणी सुचयलें.

---

दोनूय राश्ट्रां मदल्या मुक्त वेपार करारा खातीर वाटाघाटी करपा खातीर केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी काल लंडनांत ब्रिटनाचे वेवसाय आनी वेपार राज्य सचीव जोनाथन रेनॉल्ड्स ह्यांची भेट घेतली . गुंतवणूक संबंद आनी द्विपक्षीय वेपार घटमूट करपाच्या हेतान दोन दीस चर्चा करपा खातीर मंत्री गोयल लंडनांत पावले . भारत आनी ब्रिटन हांचे मदल्या मुक्त वेपार कराराचेर उलोवणी परतून सुरू करतात, आनी दोनूय देश ही कबलात मुखार व्हरपाक कटिबद्ध आसा अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें.

---

पोप फ्रांसिसाचो उत्तराधिकारी वेंचून काडपाची गुप्त परिशद फुडल्या म्हयन्याच्या 7 तारखे सावन सुरू जातली अशें व्हॅटिकनान जाहीर केलां. 21 एप्रीलाक पोप फ्रांसिस ही संवसरांत अंतरीलल्या उपरांत संक्रमणाचें वेवस्थापन करपी कॉन्ग्रेगेशन फॉर कार्डिनल्साच्या अधिवेशनांत हो निर्णय घेतला. परंपरे प्रमाण काल पर्यटकांक बंद केल्ल्या सिस्टीन चॅपलांत मतदान जातलें. संवसारांतल्या २२५ कार्डिनलांतले फकत ८० वर्सां सकयले १३५ कार्डिनल हे वेंचणुकेंत वांटो घेवपाक पात्र आसात.

---

---

उद्देगीक उत्पादन निर्देशांकान (IIP) भारताची उद्देगीक उत्पादन वाड मार्चांत 3 टक्क्यांनी वाडली, जाल्यार फेब्रुवारींत सुदारीत वाड दर 2.7 टक्क्यांनी आशिल्ली. आयआयपीच्या तीन मुखेल घटकां मदीं वीज निर्मितींत 6.3 टक्क्यांनी वाड जाली, उत्पादनांत 3 टक्क्यांनी वाड जाली जाल्यार खण वेवसायांत फाटल्या म्हयन्याच्या तुळेंत मार्चांत 0.4 टक्क्यांनी वाड जाल्या.

---

आंध्र प्रदेशांतल्यान  जावपी राज्यसभेचे उपवेंचणुके खातीर भाजपान पाक वेंकटसत्यनारायणाचें नांव उमेदवार म्हूण जाहीर केलां. काल भाजपा केंद्रीय वेंचणूक समितीन उमेदवाराचें नांव निमाणें थारायलें.

---

राष्ट्रीय ग्रीन हायड्रोजन मिशनांतल्यान एमएसएमई (सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग) खातीर संद सोदून काडपा खातीर आयज नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्रालय नवी दिल्लीच्या अटल अक्षय उर्जा भवनांत कार्यशाळा घडोवन हाडटले.ह्या कार्यशाळेंत शाश्वत हायड्रोजन अर्थवेवस्थेक आकार दिवपाक एमएसएमईची म्हत्वाची भुमिका आसतली . ह्या उदरगतशील क्षेत्रांत नवनिर्माण आनी वाड वेगान करपा खातीर एमएसएमई म्हत्वाचे आसात. घटक आनी उपकरणां विकसीत करपा खातीर तंत्रगिनयान  सहकार्य, ग्रीन हायड्रोजन पुरवण साखळींतल्यान संद, जैवद्रव्य मार्ग वापरून विकेंद्रीत हायड्रोजन उत्पादन आनी मोल साखळींत गुंतवणूक उत्प्रेरक करपाची रणनिती हांचो आस्पाव  जाता.

---

अमेरिके कडेन वेपार कबलात निमाणी करपी पयल्या देशां मदीं भारत आसपाची शक्यताय आसा अशें अमेरिकेचे खजिना सचीव स्कॉट बेसेंट हांणी परतून सांगलां. भारतांतलें तुळेन  वेपारी वातावरण आनी मर्यादीत बिगर दरवाड आडमेळीं हीं वेगान प्रगतीचीं मुखेल कारणां अशें बेसेंट हांणी सांगलें. संवसारीक वेपारी तणाव वाडत आसतना अमेरिकेन ह्या म्हयन्याचे सुरवेक व्यापक शुल्क लागू केल्ल्यान ही घोशणा जाल्या. फाटल्या सप्तकांत भारताचे भेटी वेळार अमेरिकेचो उपाध्यक्ष  व्हॅन्स हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन वेपारी प्रस्नांचेर चर्चा केल्ली आनी दोनूय वटांनी वाटाघाटी खातीर रस्तो नकासो स्थापन केला अशें पुष्टी केल्लें. आतां फुडलें पावल उखलप बीजिंगाचेर आसा अशे बेसेंट हांणी चीन विशीं टिप्पणी केली

---

---

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष  डोनाल्ड ट्रम्प हांणी देशांतरचेर  लक्ष केंद्रीत केल्ले नवे कार्यकारी आदेश जारी केल्यात, तातूंत ट्रक चालकां सारकिल्या वेवसायीक चलोवपयाखातीर  इंग्लीश भाशेंतल्या प्रवीणताय नेमांची अंमलबजावणी घटमूट करपाचो हेतू आसा. ह्या गरजेचेर दुर्लक्ष जाल्ल्यान भौशीक सुरक्षेचो धोको निर्माण जाला अशे राष्ट्राध्यक्ष  ट्रम्प हांणी म्हणला .

शेनवारा दक्षिण इराणी प्रांतांतल्या होरमोझगान प्रांतांतल्या शाहिद राजाई बंदरांत जाल्ल्या व्हड स्फोटाक लागून आनी उपरांत जाल्ल्या उज्याक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 70 मेरेन पावला आनी 1200 परस चंद लोक  जखमी जाल्यात अशी म्हायती इराणी अधिकृत खबरां एजन्सींतल्यान  दिल्या. प्रांतीय राज्यपाल मोहम्मद अशौरी ताझियानी हांणी सांगलें, उजो पुरायपणान आळाबंदा हाडला, जाल्यार सोडवणूक आनी आदाराची कामां अजूनय चालू आसात. हाचे आदीं इराणाचो आंतराश्ट्रीय मंत्री एस्कंदर मोमेनी हांणी प्रांतीय राजधानी बंदर अब्बासांत जाल्ल्या घातक स्फोटा फाटली  कारण वळखून घेतलें. सरकारी आयआरआयबी टीव्ही कडेन दिल्ले मुलाखतींत तांणी ही गजाल सांगली आनी घडणुकेचें कारण थारावपा खातीर चालू आशिल्ल्या चवकशे विशीं विस्तारान सांगलां. सर्वोच्च फुडारी आयातल्ला अली खामेनी हांणी हे घडणुकेची  चवकशी करपाचो आदेश दिला

पंजाबांत अँटी ड्रोन प्रणालीची चांचणी पुराय जाल्या आनी भारत-पाक शिमेचेर थोड्याच वेळान स्थापणूक सुरू जातली. स्थापन जाल्ल्यान ड्रोना वरवीं शिमेभायर घुवळी वखदा , शस्त्रां आनी स्फोटक पदार्थांची तस्करी तपासप सोंपें जातलें. काउंटर ड्रोन प्रणालीचे कायदेशीर चवकशी  कांय शिमेवयल्या गांवांनी जाले. तरन तारन आनी अमृतसर जिल्ह्यांत चडांत चड ड्रोन घुसखोरी आनी घुवळी वाखदा  , शस्त्रां जप्त जातात. हे यंत्रणेक लागून 10 किमी. पंजाब पुलीस मुखेली गौरव यादव हांणी सांगलें, घर

मंत्रालय आनी शिमेचे सुरक्षा दळ हांच्या समन्वयान ही तैनाती जातली.मजगतीं, तेलंगणा आनी छत्तीसगढ हांचे शिमेचेर आशिल्ल्या मुलुगू जिल्ह्यांतल्या वाजेडू आनी वेंकटपुरम ब्लॉकांत आशिल्ल्या कररेगुट्टा वाठारांत फाटल्या कांय दिसां सावन गोळीबारांतल्यान जाल्ल्यान तणाव निर्माण जालो. ह्या वाठारांत केंद्रीय सुरक्षा दळ आनी माओवादी हांचे मदीं झगडीं चालू आसात. माओवादी वावराक आळाबंदा हाडपा खातीर सुरक्षा कर्मचारी कारवाय सक्रीयपणान करतात आनी बारीकसाणेन सोद घेतात अशें थळाव्या अहवालांत सांगला .

---

ऑपरेशन कागराचेर राष्ट्रीय पांवड्यार वाद जावंक जाय अशें तेलंगनाचे मुख्यमंत्री रेवंत रेड्डी हांणी सांगलां. कागरा विशीं काँग्रेस पक्षान निमाणो निर्णय घेतले उपरांत हे विशीं सरकारी धोरण जाहीर करतले अशें तांणी सांगलें.

---

भारतिय हवामान खात्यान आयज नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, आसाम, ओडिशा आनी मेघालयात उतानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फुडल्या 5 दिसांत ईशान्य भारतात गडगड, वीज आनी वादळी वाऱ्या संयत हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला . तशेंच हवामान खत्यान हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, पंजाब, हिमाचल प्रदेश, अस्तंत राजस्थान, जम्मू काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टीस्तान, मुजफ्फरबाद हांगा आयज एकसूऱ्या सुवतिनि उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा अशें सांगलां.

---